**दाबोळी विमानतळाकडल्या ग्रेड सेपरेटराचे फाल्या उकतावण**

ता. 25 मे 2020

दाबोळी विमानतळा फुडल्या रस्त्याचेर उबारिल्ल्या ग्रेड सेपरेटर प्रकल्पाचे फाल्या ता. 26 मे 2020 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं येरादारी मंत्री श्री. माविन गुदिनो, समाज कल्याणमंत्री श्री. मिलिंद नाईक, भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दिपक प्रभू पावसकर, कुठ्ठाळीच्यो आमदार श्रीमती अलिना साल्डाणा, वास्कोचे आमदार श्री. कार्लोस आल्मेदा, गोंय राज्य साधनसुविधां विकास महामंडळाचे उपाध्यक्ष आनी म्हापशेचे आमदार श्री. जोशुआ डिसौझा, मुख्य सचिव श्री. परिमल राय, दाबोळी विमानतळाचे संचालक श्री. गगन मलीक आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत उकतावण जातले.

गोंय राज्य साधनसुविधां उदरगत महामंडळ मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला गोंय राज्यांत दर्जेदार साधनसुविधां उबारपाचे काम करता. महामंडळावतीन रस्ते, पुल, हॉस्पिटल, वाचपघरां, स्टेडिएम, जेटी, बसस्टॅण्ड, रविंद्र भवन, पेवपा तलाव, बाजार प्रकल्प आनी हेर प्रकल्पांची बांदकामां चलतात.

दाबोळीचो ग्रेड सेपरेटर प्रकल्प 41, 79,69,000.00 रूपया खर्च करून उबारला. दाबोळीचो ग्रेड सेपरेटर वेर्णा आनी वास्को वटेनच्यान फ्लायओवरानी दाबोळी विमानतळ रस्त्याक जोडिल्लो आसा. विमानांचे उड्डाण आनी देवपाच्या वेळांनी दाबोळी विमानतळा भायल्या रस्त्यांचे येरादारीची गर्दी जाताली. ह्या फ्लायओवरांक लागून आता येरादारी सुरळीत जावपाक मदत जातली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/278

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA